**<u>मानवी हक्क विशयावयल्या लघुपट सर्तीखातीर प्रवेशीका</u>**

ता. 22 सप्टेंबर 2021

राष्ट्रीय मानव अधिकार आयोगान आपल्या 6व्या वर्सुकीं मानवी हक्क विशयावयल्या लघुपट सर्तीखातीर प्रवेशीकां मागयल्यात. ह्या वर्सा सर्तीच्या इनामांची रक्कम दुपेटीन वाडयल्या. पयले इनाम 2 लाख रूपया, दुसरे इनाम 1.50 लाख रूपया आनी तिसरे इनाम 1 लाख रूपया केला. ह्या वर्सा अर्ज ऑनलायन स्विकारतले.

मानवी अधिकारांची राखण करपाच्या उद्देशान ह्या सर्तीचे आयोजन करतात. लघुपट खंयच्याय भारतीय भाशेत इंग्लिश वा हिंदीत उपशिर्शकासयत आसपाक जाय. लघुपट कमीत कमी 3 मिनटां आनी चडांत चड 10 मिनटांचो आसपाक जाय.

प्रवेशीकां स्विकारपाची निमाणी तारीख 15 ऑक्टोबर 2021 आसा. गुगल ड्रायव्ह फोल्डराचो वापर करून nhrcshortfilm@gmail.com. ह्या ई-मेलावयल्यान प्रवेशीकां धाडपाक जाय. अर्ज आनी सर्तीचे नेम आयोगाच्या www.nhrc.nic.in ह्या वेबसायटीवयल्यान डावनलोड करून घेवपाक शकता.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/789

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji